Panaji National 16th March 2026 8.40am

- वेंचणूक आयोगान चार राज्यां आनी एका केंद्र शासित प्रदेशा खातीर विधानसभा वेंचणुकेच्यो तारको जाहीर केल्यात.
- आसाम, केरळ, आनी पुडुचेरींत ९ एप्रीलाक, आनी तमिळनाडूंत २३ एप्रीलाक एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें.
- अस्तंत बंगालांत मतदान दोन टप्प्यांनी, 23 एप्रिल आनी 29 एप्रीलाक जातलें.
- आयोगान 6 राज्यांतल्या 8 विधानसभा जाग्यां खातीर पोट वेंचणुकोय जाहीर केल्यात.
- मत मेजणी 4 मे दिसा जातली.
- अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणूक जाहीर जाले उपरांत वेंचणूक आयोगान राज्यांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बदली जाहीर केल्या.
- संवसारीक संकश्टाचेर उपाय काडपा खातीर आपले वांगडी देश आपल्या आपत्कालीन सांठ्यांतल्यान व्हड प्रमाणांत तेल जारी करतले अशें आंतरराष्ट्रीय ऊर्जा एजन्सी (IEA) हांणी सांगलां.
- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणा कडेन कसळीच समजिकाय करपाची अमेरिकेची तयारी ना अशें सांगलें.

EC – 150

आसाम, केरळम, पुडुचेरी आनी तमिळनाडूंत विधानसभा वेंचणूक एकाच टप्प्यांत जातली, जाल्यार अस्तंत बंगालांत दोन टप्प्यांनी मतदान जातलें अशें भारतीय वेंचणूक आयोगान काल जाहीर केलां. नवी दिल्लींत काल चार राज्यां आनी एका केंद्रशासीत प्रदेशा खातीरच्या वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर करतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश

कुमार हांणी सांगलें, आसाम, केरळम आनी पुडुचेरींत 9 एप्रीलाक मतदान जातलें, जाल्यार तमिळनाडूंत 23 तारखेक मतदान जातलें.
अस्तंत बंगालांत 23 आनी 29 एप्रीलाक दोन टप्प्यांनी मतदान जातलें. राज्यांत पयल्या टप्प्यांत 152 विधानसभा मतदारसंघ आनी दुसर्या टप्प्यांत 142 मतदारसंघ आसतले. चारय राज्यां खातीर आनी केंद्रशासीत प्रदेशा खातीर मतांची मेजणी मे म्हयन्यांत 4 तारखेक जातली. आसाम, केरळम आनी पुडुचेरींत जावपी विधानसभा वेंचणुकेची अधिसुचोवणी आज जारी जातली. तमिळनाडू खातीर आनी अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या टप्प्याच्या विधानसभा वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी 30 मार्चाक जारी जातली. अस्तंत बंगालांतल्या दुसऱ्या टप्प्याच्या मतदानाची अधिसुचोवणी 2 एप्रीलाक जारी जातली.
वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर जाल्ल्यान राज्यांनी आनी संघराज्यांत रोखडीच आदर्श आचारसंहिता लागू जाल्या अशें श्री कुमार हांणी सांगलें. कुमार हांणी सांगलें, 824 मतदारसंघांचो आस्पाव आशिल्ल्या ह्या पांच विधानसभांनी जावपी वेंचणुकेंत 17 कोटी वयर लोक मतदान करपाक पात्र आसात.
EC By – 90
वेंचणूक आयोगान स राज्यांtlya आठ विधानसभा मतदारसंघांक पोटवेंचणूक जाहीर केल्या. विधानसभा मतदारसंघ म्हळ्यार गोंयांत पोंडा सीट, गुजरातांत उमरेठ, कार्तनाटकांत बागलकोट आनी दवनागेरे दक्षिण, महाराष्ट्रांत राहुरी आनी बारामती, नागालँडांत कोरीडांग आनी त्रिपुरांत धर्मनगर सीट. kal नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदे वेळार मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें, aaj गोंय, कर्नाटक, नागालँड आनी त्रिपुरा हांगा उप मतदानाची अधिसुचोवणी जारी जातली आनी 9 एप्रीलाक मतदान जातलें. गुजरात आनी महाराष्ट्रांत पोटवेंचणुकेची अधिसुचोवणी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक जारी जातली आनी 23 एप्रीलाक मतदान जातलें He said, the counting of votes will take place on 4th of May.
EC WB –
अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणूक जाहीर जाले उपरांत वेंचणूक आयोगान राज्यांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बदली जाहीर केल्या. वेंचणुकेचे तयारेचो नियाळ घेतले उपरांत हे निर्देश जारी केल्यात अशें आयोगान सांगलां. वेंचणूक आयोगान

नंदिनी चक्रवर्ती हांचे सुवातेर दुष्यंत नरियालाक राज्य मुखेल सचीव म्हणून नेमणूक केल्या.
संघमित्र घोश हांची अस्तंत बंगाल सरकाराच्या गृह आनी दोंगरी वेव्हार खात्याची मुखेल सचीव म्हणून नेमणूक जाल्या. आयोगाचे निर्देश रोखडेंच लागू जातले अशें वेंचणूक आयोगाचे सचीव सुजीत कुमार मिश्र हांणी सांगलें, आनी आयज दनपारां 3:00 वरां मेरेन प्रभार घेवपी अधिकाऱ्यां संबंदी पालन अहवाल सादर करचो पडटलो.

BJP – 70
येता त्या वेंचणुके खातीर एनडीए आनी भाजप चे कार्यकर्ते पुरायपणन तयार आसात अशें भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी सांगलां. चार राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशां खातीर वेंचणुकेच्यो तारखां जाहीर जाल्ल्या उपरांत नबीन हाणी सोशल मिडियाचेर केलेल्या पोस्टांत म्हळां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला आसाम आनी पुडुचेरींत परत एक फावट सरकार स्थापन करपाक एनडीए तयार आसा . तांणी सांगलें, अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, केरळमांतय लोकांच्या आशीर्वादान एनडीए खातीर जैताचो मार्ग मेकळो जाता.
Par-55
आयज लोकसभेंत रेल्वे मंत्रालयाच्या 2026-27 वित्तीय वर्सा खातीर अनुदानाची मागणी करपा विशीं चर्चा आनी मतदान जातलें. शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयाच्या अनुदानाची मागणी विशीं चर्चाय आयच्या सभाघराच्या कार्यावळींत आस्पावल्या.
राज्यसभेंत विनियोग विधेयक, 2026, विचारा खातीर घेतले. ह्या विधेयकांत 2025-26 अर्थीक वर्सा फारीकणी आनी सेवां खातीर एकत्रीत निधींतल्यान काडिल्ल्या रकमेचें विनियोजन अधिकृत करपाचो यत्न केला.
LPG – 60
देशभरांतल्या एलपीजी वितरकां कडेन गॅस पुरवणाची उणीव ना अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां.एलपीजी बुकींगांत उणाव दिसून आयला, शेनवारा सुमार 77 लाख बुकींग नोंद जाल्यात, जाल्यार ह्या म्हयन्याच्या 13 तारखेक सुमार 88 लाख बुकींग जाल्ली.बिहार, दिल्ली, हरियाणा, राजस्थान सयत जायत्या राज्यांनी

आनी केंद्रीय प्रदेशांनी सरकारी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण बिगर घरगुती एलपीजी वाटपाचे आदेश जारी केल्यात अशें तातूंत म्हणलां.

US Trump – 120

अस्तंत आशियांतलो संघर्शक आतां सोळा दिसा जाल्यात. अमेरिका आनी इझ्राएल हांच्या सैन्यान इराणाचेर केल्ल्या खर हल्ल्यांक लागून हें झूज आनीक खर जालां. इरानाटलो इस्फाहान ह्या उद्देगीक शाराचेर जायते हल्ले जाल्यात आनी ताका लागून 15 जाणांक मरण आयलां.

इस्लामिक रिवोल्यूशनरी गार्ड कोरान ताका दिटना इझ्राएलाच्या लक्ष्यांचेर मिसाइल हल्ले केले.

मजगतीं, अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणा कडेन कसलीच समजिकाय करपाक अमेरिका तयार ना, आनी सध्याची परिस्थिती अमेरिकेक मान्य ना अशें सांगलां.तशेंच खार्ग जुंव्याचेर आशिलले इराणचे मुखेल तेल निर्यात केंद्र फुडले हल्ल्याचे लक्ष्य जावपाक शकतात अशी शिटकावणी तांणी दिल्या. दुसरे वटेन इराणाचो परराश्ट्र मंत्री सैयद अब्बास अरघची हांणी सांगलें, होर्मुझ सामुद्रधुनी फकत अमेरिकन आनी इझ्राएलाच्या जहाजांखातीर बंद आसा, पूण वाडट्या धोक्यांक लागून कंपनींनी हो वाठार टाळिल्ल्यान ह्या उदकामार्गांतल्यान वेपारी जहाज येरादारी व्हड प्रमाणांत उणी जाल्या.

Telangana – 60

तेलंगणा विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज सुरू जाता. राज्यपाल शिवप्रताप शुक्ला आयज सकाळीं दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेंत उलोवप करतले. हाचे उपरांत सभाघराची कार्यवाही फाल्यां मेरेन तहकूब करतले. राज्यपालाच्या संबोधनाचेर 17 आनी 18 मार्चाक चर्चा जातली, जाल्यार 19 मार्चाक उगाडी उत्सवाक लागून सुटी आसतली. 20 मार्चाक उपमुख्यमंत्री Mallu Bhatti Vikramarka राज्य अर्थसंकल्प सादर करतले.

विभागीय अर्थसंकल्पा विशीं चर्चा ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक सुरू जातली.

Odisha –100

ओडिशांत काल दनपारां मयूरभंज जिल्हयांत खर नॉर’वेस्टराक लागून दोगा जाणांक मरण आयलें, जायते जाण गंभीर जखमी जाले आनी दोनशें परस चड घरांक लुकसाण जालें. वादळी वाऱ्याक लागून जिल्हयांतल्या उण्यांत उण्या बारा गांवांनी जायतीं झाडां आनी वीज खांबे उमठून पडले. गंभीर जखमी जाल्ल्या लोकांक लागसारच्या हॉस्पिटलांत व्हेल्यात, जाल्यार सुमार चाळीस जाणांक किरकोळ दुखापत जाल्या. जिल्हयांतल्या करणजिया ब्लॉका खाला किआ आनी कंकडा गांवांचेर सगळ्यांत चड परिणाम जाला. मजगतीं, भारत हवामान खात्यान आज खातीर मयूरभंज जिल्हया खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी करून वीज, गार आनी वादळी वारें सयत गडगडपाचो अदमास काडला. तशेंच ओडिशाच्या सुंदरगढ, केओनझार, बालासोर आनी भद्रक जिल्हयां खातीर हळडुव्या शिटकावणी जारी केल्या.

IMD –

The India Meteorological Department (IMD) has issued an orange alert ¬¬for thunderstorm accompanied with hailstorm at isolated places over Bihar, East Uttar Pradesh, Gangetic West Bengal, Jharkhand, Odisha and Uttarakhand tomorrow. The Met Department has also predicted heavy rainfall over Arunachal Pradesh, Assam and Meghalaya during the next two days.